Panaji Regional 11th October 2025 7.25am

मंत्री विश्वजीत - 190

मडगावच्या दक्षिण गोंय जिल्हाे इस्पितळात सध्या कर्मचारी उणे आशिल्ल्यान येत्या काय दिसांत ह्या हॉस्पिटलात दोतोर आनी नर्सींची भरती करतले. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी काल ही म्हायती दिली. मडगावा काल संवसारीक मानसिक भलायकी दिसा निमतान घडोवन हाडिल्ल्या एका कार्यावळी खातीर राणे हांणी दक्षिण गोंय जिल्हाे हॉस्पिटलात भेट दिल्ली.सध्या भलायकी खात्यान १०० नव्यो नर्सी भरती केल्यात. तातूंतल्यो ५० नर्सी मडगाव हॉस्पिटलाखातीर धाडटले. दोतोर आनी हेर कर्मचारी भरती करपाखातीर सध्या मुलाखती घेवप चालू आसा. ही प्रक्रिया पुराय जाल्या उपरांत तांतल्या दोतोरांची नेमणूक मडगावां करतले आनी गरज पडल्यार कंत्राटी पद्धतीन ह्या हॉस्पिटलात डॉक्टर नेमतले अशी म्हायती तांणी दिली. ते आदी राज्य टेेलेमानस गोवा आनी भलायकी खाते हांचे जोडपालवान दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलात काल संवसारीक मानसिक भलायकी दिसाची कार्यावळ जाली. त्या कार्यावळीचे उक्तावण राणे हांणी केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र माेदी हांणी टेलेमानस ही संकल्पना फुडे हाडिल्ली. हे सेवेखातीर जायत्या तरणाट्यांच्यो समस्या उण्यो जाल्यात. ही सेवा २४ वरां चालू आसून फाटल्या दाेन वर्सांत गोंयांत सुमार दोन लाख लाेकांनी हे सेवेचो लाव घेतलो अशें तांणी ह्या वेळार उलयतना सांगलें. ह्यावेळार टेलेमानस ह्या उपक्रमाखाला घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या स्पर्धांच्या जैतवंतांक इनामा वाटली. टेेलेमानस डॉक्टर आनी सल्लागारांचो ह्यावेळार भौमान जालो. दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलाचे वैजकी अधीक्षक डॉ. राजन बोरकार हांणी सगल्यांचे उपकार मानले.

मंत्री विश्वजीत - 90

गंभीर दुयेंसां आशिल्ले दुयेंती, तशेंच तांच्या कुटुंबियांक उपचारा बरोबर हेर तरेचे खासा काळजीची गरज आसता. राज्यांतल्या दरेका हॉस्पिटलांत अशी सुविधा दिवपाक यत्न सुरू आशिल्ल्याचें भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांणी सांगलें.

शुक्रारा गोमेकोंतल्या सुपर स्पेशालिटी ब्लॉकांत पॅलेटीव्ह केअर सेवेच्या उक्तावणा वेळार ते उलयताले.

Byte

ह्या वेळार डॉ. युरी डायस अंबोरकार, पूजा सिंग, डॉ. कार्ल जेम्स आनी हेर विभाग मुखेली हाजीर आशिल्ले.

आमकां पेडण्यांची फुडल्या वीस वर्सांची गरज पुराय करपी हॉस्पिटल जाय. तुयें हॉस्पिटला खातीर गरजेची यंत्रणां, मनीस बळ, डॉक्टर, तज्ञ आदी मेळ्ळे उपरांत आमी ते ताब्यांत घेतले, अशें राणे हांणी सांगलें.

Sushant – 70

दक्षिण गोंयांत उदका पुरवण करपी शेळपे - सांगे हांगासावन दक्षिण गोंयांत उदका पुरवण करपी पायपलायन आनी उदक शुध्दीकरण प्रकल्पाचें दुरुस्तीचें काम सोमारा, 13 ऑक्टोबराक हातात घेतले. त्या दिसा त्या खातीर सकाळीं 9 ते सांजे 5 मजगतीं उदका पुरवण करपी प्रकल्प बंद दवरतले. हाका लागून 13 आनी 14 ऑक्टोबराक सांगे, कुडचडे, केपे, सावर्डे, कुडतरी, कुंकळ्ळी, वेळ्ळी, बाणावली, मडगाव, फातोर्डा, नावेली, नुवे, कुठ्ठाळी, दाबोळी, वास्को आनी मुरगांव मतदारसंघांनी उदका पुरवण मर्यादीत आसतली अशी म्हायती उदका खात्यान दिल्या.

Pai – 60

स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयाच्या मार्गदर्शक कक्षान "मानसीक भलायकी हो एक सार्वत्रिक हक्क: संकश्टाच्या काळांत आमची वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी" ह्या विशयाचेर काल संवसारीक मानसीक भलायकी दीस मनयलो. मानसीक बऱ्यापणाचें म्हत्व आनी संकश्टाच्या काळांत मानसीक भलायकी सांबाळप ही सगळ्यांची वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी आसा हाचेर भर दिवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो. प्राचार्य अच्युत पेडणेकार हांणी ह्या वेळार उलोवप केलें.

खबरा वाचक - 40

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

Weather – 20
गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 32 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

Sports – 50
कबीर पिण्टो मखीजा हांच्या फुडारपणाखाला, गोंय टेबल टॅनीस असोसिएशन आनी जीव्हीटीटीए हांच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ली सातवी डॉ. फिलिप पिण्टो स्मृती टेबल टॅनीस सर्त गॅस्पर डायस टॅनीस क्लबात 18 ऑक्टोबराक सकाळीं 9 वरां सावन सुरू जातली. सर्त दोट्टीप्रकारांत जातली. तशेंच मास्टर्स आनी एलीट विभागांत लेगीत खेळ जातले.